# कला महाविद्यालयाचो कला उत्सव

ता.21 मार्च 2018
30 फाल्गुन 1939

आल्तीन-पणजी हांगाच्या गोंय कला महाविद्यालयाचो वर्सुकी कला महोत्सव फाल्या 22 मार्चाक दनपरा 3.00 वरासावन सूरू जाता. कला महाविद्यालयाच्या सुमार 200 विद्यार्थ्यांनी वर्सभराच्या काळात तयार केल्ल्या चित्रकला, शिल्पकला, व्यक्तीचित्रा, छायाचित्रा, व्हेवारीक कला, दृकश्राव्य कला, संगणकीय चित्रकला, हस्तकलेचे प्रदर्शन आयोजीत करतले.

ह्या वर्सा गोवा फिल्म सिटी ह्या संकल्पनेचेर महोत्सव आयोजीत करतले. 22 मार्चाक कला महोत्सवाचे उक्तावण जातले. 23 मार्चाक आदल्या विद्यार्थ्यांचो मेळावो, 24 मार्चाक पालक मेळाव्याचे आयोजन, 26 ते 28 मेरेन महाविद्यालय मर्यादीत वेगवेगळ्या सर्तींचे आयोजन केला.

कलाकृतीचे प्रदर्शन 6 एप्रिल मेरेन उक्ते आसतले. विद्यार्थी, कलामोगी, पालक आनी लोकांनी ह्या प्रदर्शनाक भेट दिवन विद्यार्थ्यांनी तयार केल्ल्या कलाकृतीचो आस्वाद घेवचो, अशें कला महाविद्यालयचे प्राचार्य श्री. महेश वेंगुर्लेकर हांणी मागला.